Panaji

Regional News

16 Jan 2026 1920 hrs

पोदेर, नुस्तेंकार, फुलकार, पाडेली, खाजेंकार हांकां वळखपत्रां दिवपा सयत आदार दिवपी येवजण सूरू जातली. मिठागरांक ५० हजार रुपयांची अर्थीक मजत दिवपी येवजण सुरू जातली, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मारलो. पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेजीस ब्रागांझा सभाघरांत आयज अस्मिताय दिसाची कार्यावळ जाली. हे कार्यावळींत मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. राजभास संचालनालयान हे कार्यावळीचें आयोजन केल्लें. गोंय स्वतंत्र उरचें काय महाराष्ट्रांत विलीन जावचें हें थारोवपा खातीर जनमत कौल घेतलो. गोंयकारांनी स्वतंत्र रावपाचो कौल दिल्ल्यान गोंय वेगळें राज्य जालें. ना जाल्यार गोंय हो एक जिल्लो आसतलो आशिल्लो, अशें डाॅ. सावंत हांणी सांगलें. पर्यटन, सादनसुविधा तशेंच सगल्या मळाचेर गोंयात व्हडा प्रमाणांत उदरगत जाल्या. खोलाची मिरसांग, ताळगांवचीं वायंगीं हांचे सयत १५ वस्तूंक जीआय टॅग मेळ्ळा. गोंयची वळख जपपा खातीर खाजें तशेंच हेर परंपरीक उत्पादनां सांबाळून दवरपाची गरज आसा, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

गोंय अस्मिताय दिसाच्या कार्यावळी दक्षिण गोंयांत वेगवेगळया सुवातींनी मनयल्यो ह्यो कार्यावळी गोंय सरकाराच्या राजभाषा संचलनालयान वेगवेगळया संस्थांच्या आलाशिऱ्यान मनयल्याे. मडगांवां कोंकणी भाशा मंडळाच्यावतीन आयज कोंकणी भवनात सकाळी प्रश्नमंजुषा सर्त जाली. उपरांत दनपरां सांस्कृतिक कार्यावळ जाली. ते उपरांत दनपरा ४ वरांचेर मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतन सभागृहात जाल्ले कार्यावळीत आदले आमदार उदय भेंब्रे आनी राधाराव ग्रासियस यांनी मार्गदर्शन केले.अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेवतीन आयज सकाळी केपे तालुक्यांतल्या शाळांखातीर वेगवेगळयो सर्ती घडोवन हाडल्याे. ही कार्यावळ कुडचडेच्या काडा सभागृहात जाली. दाल्गाद कोंकणी अकादमीवतीनय ह्या निमतान कासावली हांगाच्या सेंट थॉमस सभागृहात कोकणी गीत आनी संगीत ही कार्यावळ जाली.

राज्यात 75 भंगारअड्डे आसात. हांतुल्लया कितल्याश्याच भंगारअड्याकडे उजो पालोवपी दळाचो ना हरकत दाखलो ना, भंगारअड्आचो विशय धोकादायक आसुन हाचेखातीर उजो लागप वा हेर तऱ्हेची आपत्कालिन घडणुक घडपाची शक्यताय नाकारपाक शकना अशे युरी आलेमाव हांणी सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सरकार भंगारआड्याखातीर खासा धोरण तयार करता. ह्या धोरणाप्रमाण राज्यातल्या भंगारअड्यांनी नोंदणी करप, तशेंच गरजेचे रितसर परवाने घेवन भंगारअड्डे चलवप सक्तीचे आसा. राज्यात वेगेवगळया वाठारात खासजगी सुवातींचेंर भंगारअड्डे आसात, तांका उद्देगिक वसणुकेत वा वसणुकेच्य आशीकुशीकच्या वाठारात स्थलांतर करपाचे निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

दिवचल बस स्टेणडांचे काम 2023 वर्सा सुरु जाल्ले. जाल्यार दोन वर्सा भितर हे काम पुरा जावपाचे आसले . आत ह्या कामाक तीन वर्सा पुराय जाली , तरी लेगीत बस स्टेण्डांचे काम पुराय जांवक ना , हे विंशी कितलेशेच फावट आमदार ह्या नात्यान विचारपुस करुन लेगीत बस स्टेण्डाच्या बंधकामाचे काम अडकुन पडला अशे आमदार चंद्रकांत सेट्ये हांणी शुन्य वराक सभाघराच्या नदरेक हांडुन दिले. दिवचल बस स्टेणडांचहो प्रस्न बेगीन सुटावो करपाचे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

हडफडच्या बर्च क्लबाक उजो लागपाच्या घडणुकची सरकारान सीबीआय चौकशी करची, तशेच हे सगळे जावपाखातीर प्रशासकीय घाळपणा जपसालदार आशिल्यान संबंधित बेजवाबदार मंत्र्याक मंत्रिमंडळातल्यान काडुन उडोवचो अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केला. सभाघराच्या कामकाजावेळार प्रस्नोतराच्य वराक युरी आलेमाव हांणी बर्च प्रकरणाचेर सरकार कशा पध्दतीन कारवाय करता असो प्रस्न केल्लो. त्यावेळार सी.बी.आय चैकशी करची, तशेंच दंडधिकाऱ्यांवरवी ह्या प्रकरणाची चवकशी केल्लो अहवाल विधानसभेच्य◌ा पटलाचेंर दवरचो अशी मागणी तांणी केला. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे विंशीची चवकशी सध्या सुरु आसा. ती सोपल्या उपरांत संबंधित अहवाल दिता अशी जाप दिल्या. जाल्यार बर्च घडणेकउपरांत राज्यातल्या ८६ अशात ईच्या

आस्थापनांची पळोवणी केल्या,जाल्यार रितसर  परवाने नाशिल्या कारणान २२ आस्थापनाक सील मारला अशी म्हायती मुखएलमंत्र्यान दिल्या. आजुन मरेने सराकरान नायट क्लब  म्हण वेवसाय करपाक कोणाकुच परवाने दिल्ले ना अशी म्हायीत ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

कला अकादमीच्या 58 व्या मराठी अ गट नाट्य सर्तीचो निकाल आयज जाहीर जाला. रुद्रेश्वर पणजी या संस्थेच्या ' द लास्ट सेल ' या नाटकाक एक लाख रुपयांचे पयले इनाम फावो जालां. सियावर राम गिमोणे डिचोली हांच्या डेथ अँड द मॅडन या नाटकाक  दुसरे,  सिद्धिविनायक क्रिएशन पणजी हांच्या दाह ह्या  नाटकाक  तिसरे जाल्यार  श्री नागेश महालक्ष्मी प्रसादिक नाट्य समाज बांदीवडे  हांच्या कारमेलीन ह्या आनी सिरी संपीगे ह्या नाटकाक उत्तेजनार्थ पुरस्कार प्राप्त जाले. दिग्दर्शन- प्रथम पुरस्कार सतीश नार्वेकर , दुसरे इनाम - वैभव गोविंद कवळेकर हांका फावो जाले. वैयक्तिक अभिनय पुरुष - दीपक आमोणकर-  प्रथम ; रामकृष्ण कळंगुटकर द्वितीयवैयक्तिक अभिनय स्त्री प्रथम स्नेहल गुरव द्वितीय वैष्णवी पै काकोडे

नेपथ्य प्रथम वैभव कळंगुटकर

प्रकाशयोजना प्रथम श्री निलेश महाले

वेशभूषा प्रथम वैष्णवी पै काकोडे

ध्वनी संकलन श्री प्रथमेश उपस्कर

रंगभूषा श्री सुयश सुर्लकर

नाट्य लेखनाखातीर  सिताराम रेडकर हांका  प्रथम जाल्यार  अंतरा भिडे हांका  दुसरे इनाम फावो जाले. कला अकादमीच्या या अ गट नाट्य सर्तीचे  परीक्षण नंदकुमार सावंत मुंबई विद्यासागर अध्यापक कोल्हापूर आणि मानसी राणे मुंबई हांणी केले.

जॉब स्कॅमात घुसपिल्लया पुजा नायक ह्या दुबावीत आरोपीची 4.40 कोटी रुपयाची मालमत्ता जप्त  केल्या. हांतुन तीच्यो मोटारी, तशेंच  फोरनाच्य भोवणेंचो, तशएचं  बॅक खात्यान  आशिल्या पैशांचो आसपाव आसा . कायदेशीर  कारवाय पुराय जाल्या उपरांत जांचेकडल्यान पुजा नायकान पयशे घेतला , त्या  मनशांक तांचे पयशे परत  करपाविंशी सरकार  प्रक्रिया करतले  अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेचं  गृह मंत्री  दोतोर  प्रमोद सावंत  हंणी दिल्या. सराकरी खात्यानी नोकरी दिता

म्हण सागुंन  पुजा नायक  हिणे वेगवेगळया मनशांक पैशे घेवन नागयल्यात. ह्या पैशाचो आकडो 17 कोटी रुपाया आसतना तीचेआड  फकत  26 लाख  रुपयाचीच केशी नोंद कशी जाल्यात, बाकीचे पयशे खंय गेले काय असो प्रस्न  फार्तोडेच आमदार  विजय सरदेसाय हांणी प्रस्नोतरर्राच्या वेळाक केल्लो. ह्यावेळार  मुखेलमंत्र्यान पुजा  नायक हिणे ते पयशे स्वत मोडले अशी जाप मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत  हिणे दिल्या.

बाणावलीचे आमदार वेन्झी विएगश हांणी 450 वर्सा पयलीचे  मोंन्ते चॅपलचे नुतनीकरण करपाखातीर  सरकारान पावला उबारची.चॅपल आशिल्लया वाठाराकडे  दोगोर  ढासाळपाक लागला, ताका लागुन चॅपलाच्या वाठारात  राखणी वणत बेगीन बांदची अशी मागणी ह्यावेळार वॅन्झी विएगश हांणी केला.

कुडतरीचे आमदार एलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स हांणी फोरेनाक  वचपी  गोंयच्य नागरीकांक पुलिस क्लियरन्स सर्टीफीकेट मेळपाक कळाव जाता अशे  सभाघराच्या  नदरेक हाडुन दिले. सद्याक  22 दिस जाले तरी लेगीत ही सर्टीफीकेट  मेळना अशे एलेक्सान सागंले. ह  प्रस्न जता तितल्या बगीन सुटावो करपाचे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

फार्तोडेचे आमगदर  विजय सरदेसाय हांणी मडगाव नगरपालिकेने सोपो वाडयिल्लया कारमान पावाचे मोल वाडवपाची शिटकावणी मडगांवच्या बेकर्स संघटनेन दिला मडगाव नगरपालिकेन सोप्या खातीर  घेताता तो शुल्क उणो करचो अशी मागणी ह्यावेळार  विजय सरदेसाय हांणी केला.

विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हंणी आसगावा राती र्लबावतीन मोठ्या मोठ्यान संगीत लायिल्लया कारणान थळाव्याक आवाजाच्या प्रदुशणांक तोंण दिवचे पडटा .सरकारान अशे करप्यांचेर  कडक कारवाय करची अशी मागणी केल्या. जाल्यार केपेचे आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी केरपे मदारसंघात  पुलिस स्थानक, तशेच सुमार 5 कोटी रुपयाचे हेर प्रकल्पाची कामा अडकुन उरल्यात. ती कामा बेगोबेग  पुराय करची अशी मागणी  शुन्य वराक  केल्या. सांत - आंद्रेचे आमदार  विरेस बोरकार  हंणी जुवेच्या पुलाचे  प्रस्तावित  काम बेगोबेग सुरु करची अशी मागणी  केल्या.

खेळ आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय 69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां चॅम्पियनशिप 2025-26 खातीर गोंय राज्य पंगडांक प्रतिनिधीत्व करपा खातीर बीच व्हॉलीबॉल अंडर-14 & अंडर-19 चलयां मदीं निवड चांचण्यो करतले.

बीच व्हॉलीबॉल U-14 & U-19 चलयां खातीर निवड चांचण्यो 19 जानेवारी 2026 दिसा जातली, अहवाल दिवपाचो वेळ 2.30 p.m. ते सांजवेळा 3.30 मेरेन. मिरामार बीच हांगा.14 वर्सां सकयल्या खेळगड्याचो बॅच 01 जानेवारी 2012 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्लो आसूंक जाय आनी वयल्या खेळगड्याचो 19 वर्सां सकयल्या बॅचाचो जल्म 01 जानेवारी 2007 दिसा वा ताचे उपरांत आसूंक जाय.